मुख्यमंत्र्या हस्तूकीं राज्य शिक्षक पुरस्कार भेटयले

ता. 13 सप्टेंबर 2019

हुशार आनी बुद्दीमान पिळगीं घडोवपा खातीर शिक्षकांनी शिक्षणाच्या मळार जावपी बदल, नवीन तंत्रज्ञान आनी संशोधन संबंदीत कार्य शिकून घेवपाचो आनी आपल्या शिक्षकी पेशाचो दर्जो वाडोवपाचो उलो मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज हांगा आयोजीत राज्य शिक्षक पुरस्कार भेटवण सुवाळ्यात उलयतना मारलो.

मुख्यमंत्र्या हस्तूकीं मुळावी शाळां शिक्षक गटात श्री. प्रकाश नारायण गांवकर आनी श्रीमती सुरेखा दामोदर पागी, माध्यमिक शाळां शिक्षक गटात श्री. शिवदास वामन खवटणकर, श्री. विजयकुमार कोप्रे देसाय, विशेश शिक्षक गटात मिना डायस आनी मुख्याद्यापक गटात श्री. सुदन फटी नाईक आनी श्री. निळू पुतू जल्मी हांक राज्य शिक्षक पुरस्कार भेटयले.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यान म्हणले, शिक्षकांनी आपल्या पुराय जीणेत शिक्षक जावन रावपाक जाय. नवीन विशय शिकून आपले ज्ञान वाडोवपाक जाय आनी विद्यार्थ्यांक बरे तरेन मार्गदर्शन करपाक जाय. सरकार शाळांतल्या शिक्षणाचो दर्जो वाडोवपा खातीर संगणक प्रयोगशाळा आनी हेर सुविधां उपलब्ध करपाक प्राधान्य दिता, अशेंय तांणी म्हणले.

शिक्षण सचीव श्रीमती निला मोहनन हांणी गोंयान शिक्षणाच्या मळार उत्कृश्ट प्रगती केल्ल्याचे सागून शिक्षकांनी शिक्षणाचो दर्जो वाडोवपा खातीर नवीन तंत्र आपणावपाची गरज उकतायली.

राज्य शिक्षक पुरस्कार मानकरी श्री. प्रकाश नारायण गांवकर, मिना डायस आनी श्री. सुदन फटी नाईक हांणीय आपले मनोगत व्यक्त केले.

शिक्षण विकास महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. कांता पाटणेकर, संचालक गोंय शिक्षण मंडळाचे अध्यक्ष श्री. रामकृष्ण सामंत, तांत्रिक शिक्षण संचालक श्री. विवेक कामत आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

सुरवेक शिक्षण संचालक श्रीमती वंदना राव हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/577

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA